# विशेश ऑलिंपिक खेळात पदक जैतवंत खेळगडयांक रोख पुरस्कार भेटयले

ता.27 मार्च 2018
6 चैत्र 1940

सरकार राज्यात खेळाक प्रोत्साहन दिवपाक आनी त्याखातीर आवश्यक आशिल्ल्यो साधनसुविधा निर्माण करपाखातीर उमळशीकेन यत्न करता अशें खेळांमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी काल पर्वरी सचिवालयात गोंय खेळा प्राधिकरणान विशेश ऑलिंपिक खेळांत पदका मेळयिल्ल्या ॲथलेटीक खेळगडयांक रोख पुरस्कार भेटोवपाक आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात उलयताले.

ॲथेन्सात 2011 जाल्ल्या वर्ल्ड समर गेम्स, कोरियात 2013 जाल्ल्या वर्ल्ड पिंटर गेम्स आनी ऑस्ट्रेलियात 2017 त जाल्ल्या वर्ल्ड विंटर गेम्सात पदकां मेळयिल्ल्या ॲथलेटीक खेळगडयांक एक कोटी रूपयांचे रोख पुरस्कार भेटयले.

श्री. आजगावकर हांणी आंतरराष्ट्रीय पातळीचेर गोंयचे प्रतिनिधीत्व करून आपले खेळा कौशल्य प्रदर्शित केल्ल्या विशेश भुरग्यांचे अभिनंदन केले. तशेंच पालकांनी आपल्या भुरग्याक विशेश ऑलिंपिकाखातीर प्रोत्साहन दिल्लेखातीर तांचीय तोखणाय केली. सरकारान सुरू केल्ल्या खेळा धोरणाक लागून खेळाच्या प्रोत्साहनाक भरपूर मदत जाल्या अशेंय तांणी सांगले.

खेळा सचिव श्री.जे.अशोक कुमार हांणीय विशेश ऑलिंपिक खेळात जैतवंत थारिल्ल्या भुरग्यांची तोखणाय केली.

खेळा खात्याचे संचालक श्री. व्ही.एम.प्रभूदेसाय हांणी खेळाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर खेळा खात्यावतीन चालू आशिल्ल्या प्रयत्नांची म्हायती दिवन विशेश ऑलिंपिक खेळात सहभागी जावन पदका जोडलेल्या खेळगडयाक पयलेच फावट अशा तरेन एक कोटी रूपयांचे पुरस्कार दिवपात येता, अशें सांगले.

हया वेळार वेगवेगळया खेळा प्रकारातल्या प्रशिक्षकांचोय सन्मान केलो.

खेळा प्राधिकरणाचे जोड संचालक ब्रुनो कुतिन्हो, श्री. सत्यवान तळवडकर, श्री. वसंत नाईक, श्रीमती वृशाली कार्दोज, श्री. महेश रिवणकर आनी हेर अधिकारी हयावेळार हजर आशिल्ले.

श्री. दत्तात्रय प्रभूदेसाय हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.